# <u>राजभवनाक लोकां कडल्यान मेळ्ळो जबरदस्त प्रतिसाद</u>

पणजीः 19 डिसेंबर 2023

गोंय मुक्ती दिसा निमतान सर्वसामान्य लोकां खातीर उक्तें दवरिल्ल्या दोनापावलाच्या राजभवनांत पर्यटकां सयत कितल्याश्याच लोकांनी आयज भेट दिली.

गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांच्या मार्गदर्शना खाला इतिहासांत पयलेच खेपे कसलोच शुल्क घेनासतना सामान्य लोकां खातीर भेट दिवपाची सोय जावची म्हूण राजभवन उक्तें दवरलें.

ह्या उपक्रमाक सर्वसादारण लोक, भोंवडेकार आनी पर्यटकां कडल्यान व्हड प्रतिसाद मेळ्ळो. वेगवेगळ्या मळावेल्या लोकांनी आपले कुटुंब आनी इश्टां सयत राजभवनाक भेट दिली. भोंवडेकारांक पंगडांनी घेवन राजभवन संकुलांत राजभवन पॅलेस, चॅपल, म्युझीयम, व्हिंटेज कॅडिलॅक कार, ओल्ड दरबार हॉल, कॉन्फरन्स हॉल, डायनिंग रूम, हेरिटेज स्ट्रक्चर आनी पुरातन वस्तू दाखयल्यो. हे संदीचो लाव घेवन हो उपक्रम व्हड प्रमाणांत येसस्वी करपी त्या सगळ्या भोंवडेकारांचे आनी पर्यटकांचे राजभवन उपकार मानता.

डीआय/एनबी/डीबी/पीएन/एसजी/2023/

Issued by the Department of Information & Publicity
Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.